**लालजी टंडन हांच्या मरणाचेर राज्यपालाक दुख्ख**

ता. 21 जुलय 2020

गोंयचे राज्यपाल श्री. सत्य पाल मलिक हांणी मध्यप्रदेशचे राज्यपाल श्री. लालजी टंडन हांच्या मरणाचेर दुख्ख उक्तायला. राज्यपाल आपल्या सहवेदना संदेशात म्हणटा, मध्यप्रदेशचे राज्यपाल श्री. लालजी टंडन हांच्या दुखेस्त मरणाची खबर आयकुन म्हाकां  दुख्ख जाता. ते भारतीय जनता पक्षाचे एक ज्येश्ठ फुडारी, अणभवी प्रशासक, नम्र आनी इश्टागतीचें व्यक्तिमत्व आशिल्ले.

जेन्ना हांवे बिहारच्या राज्यपाल पदाचो ताबो सोडलो तेन्ना श्री. लालजी टंडन हांणी  बिहारच्या राज्यपाल पदाचो ताबो घेतलो. तांणी बिहारात आपल्या कार्यकाळात शिक्षणाच्या मळार सतत वावर केलो. तांणी दीर्घकाळा खातीर उत्तरप्रदेशात एक मंत्री म्हुण सेवा करतना लोकांच्या कल्याणाखातीर वावर केलो. सर्गेस्त अटल बिहारी वाजपयी हांचे कडेन तांचो लागीचो संबंद आशिल्लो आनी ते तांच्या वेंचणूक विभागाचे प्रभारी आशिल्ले.

तांच्या पिळगेंतले फुडारीं संवसारातल्यान लव्हु लव्हु सोपता हे पळोवन दुख्ख जाता, जे देशाखातीर व्हड लुकसाण जावन आसा अशें म्हाकां दिसता. हांव तांच्या कुटुंबाक म्हज्यो सहवेदना आनी सहानुभूती कळयता, अशें राज्यपाल म्हणटा.

म्हा /सप/ ऑपे/ विगां/ 2020/402

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA